अधिवेशन -

कुठ्ठाळी मतदारसंघातल्या कासावलीच्या मुळाव्या भलायकी केंद्रात कर्मचाऱ्यांचो उणाव, तशेंच अल्ट्रा सावंड, वा हेर तऱ्हेची गरजेची भलायकीची माखना हाड्ची अशी मागणी कुठ्ठाळेचे आमदार आंन्तोन वाझ केली. दोतोरांचो उणाव आनी हेर भलायकी कर्मचाऱ्यांची बेगोबेग नेमणुक करता.आनीकुय दोतोर सेवेत घेवपाच्या नदरेतल्यान काम सुरु आसा अशी म्हायती मंत्री विश्वजित राणे हांणी दिली.

ज्या भशेन तामिळनाडु राज्यात धिरयो कायदेशीर केल्यात, तेचप्रमाण गोंयांत लेगीत धिरयो सराकरान कायदेशीर करच्यो अशी मागणी मांद्रेचे आमदार जीत आरोलकार हांणी केली. ह्या सुचोवणेक आमदार विजय सरदेसाय, वेन्झी विएगश,डिलायला लोबो, रुदाल्फ फर्नांडीस, रेजिनाल्ड लोरेंन्स, हांणी तेको दिला.ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी धिरयो कायदेशीर करपाक मेळटा काय ना, ते विशी पळयता अशे सांगले. उत्ताडार सोडपी गोरवांक लागून अपघाताचे प्रमाण वाडला अशे वेळ्ळीचे आमदार क्रुझ सिल्वा अधिवेशानच्या सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले .

जनावरा सांबाळ खात्याचे मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी हेडग्या गोरवाचो प्रश्न सोडोवपाक पंचायतीकडे कबलात करतले अशे सांगले तर उत्ताडार सोडपी गोरवांच्या धनयाआड कडक कारवाय करतले अशी शिटकावणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

लाडली लक्ष्मी येवजणेचे जे अर्ज उरल्यात ते पळोवपाक बायल आनी भुरगी खात्याची एक समिती स्थापन करुन हो प्रस्न सुटावो करता तशेंच जांणी एक वर्सा उपरांत उसरा ह्या येवजणचो लाव घेवपाक अर्ज केल्यात तांचेय अर्ज निकालात काडटा अशी जाप बायला आनी भुरगी उदरगत खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी आमदार गोविद गावडे हांच्या प्रसनांक दिली

विधेयक संमत – ६०

सरकारी जमिनीत ४००चौखण मीटर मेरेनचे घर वा बांदकाम अधिकृत करपाची तजवीज आशिल्ले गोंय भूंय महसूल दुरुस्ती विधेयक सभाघरात चर्चे उपरांत संमत जाले. ब-याच गोंयकारांची सरकारी जमीनीत घरा आसात. ती अधिकृत करुन तांका संरक्षण दिवपा खातीर सरकारान हे विधेयक हाडला, अशें मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी विधेयकाचेर उलयताना स्पश्ट केले. कायदो जाले उपरांत घर अधिकृत करपाखातीर ६ म्हयन्याभीतर अर्ज करप आवश्यक आसा.

DIP 80

थळाव्या उद्देगांक उर्बा दिवपाक , आर्थिक विकासाची वाढ आनी रोजगाराच्यो संद निर्माण करपाखातीर उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालय 'एक तालुका एक उत्पादन' उपक्रम सुरू करतले. हो उपक्रम यसस्वी करपाक , उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालयान दरेका तालुक्यात प्रोत्साहन दिवपाक अशा संभाव्य उत्पादनांबद्दल जनतेकडच्यान सूचोवण्यो मागयल्यात. स्थानिक

संसाधना, कुशलताय आनी विशेष अशा तंत्राचो वापर करून त्या उत्पादनांचो विकास करप हो ह्या उपक्रमाचो मुखेल हेत आसा.

क्विझ सर्त -
भारतीय नौदलान माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक विद्यार्थ्यां खातीर थिंक २५ ह्या नावा खाला क्विझ सर्त घडोवन हाडल्या. नववी ते बारावे मेरेनचे विद्यार्थी हे राष्ट्रीय पांवड्याचे सर्तींत वांटो घेवंक शकतात. गोंय राज्य शिक्षक प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेन गोंयच्या विद्यार्थ्यांक हे सर्तींत वांटो घेवपाचें आवाहन केलां. ही सर्त ऑनलायन आनी ऑफलायन मोडांत जातली.

IMD 50

राज्यात फुडले ६ दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 40 ते 50 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 60 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशें गोंय वेधशाळेन कळीत केला

क्रिकेट – ९०

लंडनातल्या केनिंगटन ओवलात काल भारत आनी इंग्लंड पंगडामदी पाचव्या आनी निमण्या कस लावपी क्रिकेट खेळाक सुरुवात जाली. इंग्लंड पंगडान कुरु बावलो जिकून पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. भारताच्या डावाची सुरुवात बरी जावंक ना. पूण करुण नायरान बेसबरो खेळ केलो. तो ५२ धावंड्यांचेर नाबाद आस. साई सुदर्शनान ३८ धावंड्यो केल्यो. काल पयल्या दिसाचो खेळ सोपलो तेन्ना भारतान 6 बाद 204 धावंड्यो केल्ल्यो.

इंग्लंडच्या गस ॲटकिन्सन आनी जोश टँग हांणी दरेकी दोन गडे बाद केले. पावसाक लागून हे खेळात दोन फावट आडखळ आयली. इंग्लंड पंगडान हे खेळामाळेत २-१ अशी आघाडी घेतल्या.